14 January 2025

आकाशवाणी पणजी

केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं,

जे के राजनाथ सिंह-

जम्मू-काश्मीर PoK नासतना अपूर्ण आसा, आनी PoKतल्या लोकांमदीं, धर्माच्या आदाराचेर भेदभाव जाता, अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज सांगलें. जम्मूतल्या अखनूर वाठारांत, लश्करान आयोजीत केल्ल्या माजी सैनिक रॅलीक संबोधीत करतना, पाकिस्तान व्याप्त काश्मीरांत सक्रीय लाँचिंग पॅड आसात आनी भारत ताचेर कारवाय करतलो, अशें संरक्षण मंत्री सिंग हांणी सांगलें. ताणें लश्कर सैनिकांच्या बलिदानाची तोखणाय केली. संरक्षण मंत्र्यानी १०८ फूट उंचायेचेर राश्ट्रध्वज उबारून, अखनूरांत दायज संग्रहालयाचें उक्तावणूय केलें. हया संग्रहालयांत वेगवेगळ्या झुजांत वापरिल्लीं, शस्त्रां आनी झुजाऱ्यांची शिल्पां दवरल्यात.

पीएम राष्ट्रीय हळद मंडळ -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज, राष्ट्रीय हळद मंडळाची थापणूक

केल्ल्याची तोखणाय केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, प्रधानमंत्र्यानी मंडळाची स्थापणूक, ही खासा करून देशांतल्या कश्ट करपी शेतकारांक उफाट खोशीची गजाल आसा, अशें म्हणलां. हाकालागून हळद उत्पादनांत नवनिर्माण, जागतीक प्रचार आनी मोल वाडोवपाची बरी संद मेळटली, अशें तांणी स्पश्ट केलें. तशेच पुरवण साखळी घटमूट जातली आनी शेतकार आनी गिरायकांक सारकोच फायदो जातलो, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

अश्विनी -

राष्ट्रीय राजधानींत मेगा रेल्वे पुनर्विकासाचे काम चालू आसा, अशें भाजपा फुडारी आनी रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज सांगलें. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना, मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें, कि फाटल्या धा वर्सांत दिल्लीत रेल्वे खातीर, अर्थसंकल्पांत निधी वाटप जाला. अर्थसंकल्पीय वाटप आतां 582 कोटी रुपया मेरेन पावलां, जें धा वर्सां आदीं, 96 कोटी रुपया आशिल्लें. हातूंत 27 टक्के वाड नोंद जाल्ली, अशें तांणी सांगलें. दिल्लीच्या 13 स्टेशनांचेर पुनर्विकासाचें काम चालू आसा. वाडत वचपी प्रवाशांचो आंकडो प्रभावीपणान हाताळपा खातीर, रेल्वे स्टेशनांचेर क्षमता वाडोवपाचें काम सुरू आसा, अशेंय मंत्री वैष्णव हाणी सांगलें.

रियाध मंच-

मीन क्षेत्रांतल्या गंभीर आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर, 85 परस चड देशांतल्या मिन उद्देगाचे प्रतिनिधी एकठांय येऊन, आयज रियाधांत, Future Minerals Forum 2025 हो मंच सुरू केलो. केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी किशन रेड्डी, हांणी 50 परस चड राश्ट्रांच्या मंत्री आनी अधिकाऱ्यां वांगडा, किंग अब्दुला-झीज आंतरराष्ट्रीय परिशद केंद्रांत जावपी ह्या प्रतिश्ठीत कार्यावळींत, वांटो घेतलो. साउदी अरेबियाच्या उद्देग आनी खनिज संसाधन मंत्रालयान, राजा सलमानाच्या आदारान आयोजीत केल्ल्या, ह्या तीन दिसांच्या मंचाची सुरवात मंत्रिमंडळ गोलमेज परिशदेन जाली. सरकाराच्या फुडारपणा खाला केल्ल्या ह्या उपक्रमांत, खनिज पुरवणेत गुंतवणूक वाडोवप आनी पुराय आफ्रिका, अस्तंत आनी मध्य आशियांत क्षमताय वाडोवप, हो हेत आसा.

दिल्ली मतदान जप्त -

दिल्ली विधानसभा वेंचणूक जाहीर जाले उपरांत, दिल्ली पुलिसांनी आदर्श आचारसंहितेचें उल्लंघन केल्ल्यान, 150 गुन्यांव नोंद केल्यात. सुमार 105 परवानो नाशिल्लीं शस्त्रां आनी 78 कार्टुजा, जप्त केल्यात. ह्या काळांत 12 कोटी रुपयां परस चड मोलाचीं, 57 किलोग्रामां वयर घुंवळी वखदां आनी एक कोटी परस चड, रोख रक्कम जप्त केल्या.

प्रतिबंधात्मक कारवाय आनी अबकारी कायद्या खाला, 6 हजारां वयर लोकांक अटक केल्या, अशें पुलिसांनी सांगलें.

भाशिणी महाकुंभ - 50

सरकाराच्या अत्याधुनीक भाशिणी ह्या माध्यमावरवीं, उत्तर प्रदेशांत प्रयागराजांतल्या महाकुंभाक भेट दिवपी भक्तांक आनी यात्रेकरुंक, बहुभाषी सुलभताय मेळपाक मजत जाता. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयाच्या भाशिणी ह्या माध्यमाचेर, 11 भाशांनी अणकार जावन, मजत मेळटा. हाच्या आदारान, भेट दिवपी लोकांक आपल्यो कागाळीं, तांच्या मूळ भाशेंत नोंद करूं येता.

पीएम अमृत स्नान -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज, महाकुंभांत पयल्या अमृत स्नानांत वांटो घेवपी भक्तांक, मकर संक्रांतीची परबीं दिली. महाकुंभा विशी सांगतना मोदी हांणी म्हणलें, कि महाकुंभ हें भक्ती आनी अध्यात्माचें खरें प्रतिबिंब आसा.

मकरसंक्रांती पीएम -

मकर संक्रांती, पोंगल, बिहू, उत्तरायण परब आयज देशभर, व्हडा उर्बे उमेदीन मनयतात. ही परब म्हळ्यार कापणीचो हंगाम आनी कृतज्ञतायेची भावना. तमिळनाडूंत पोंगल परब खूब उमेदीन मनयतात. कुटुंबां पोंगल हो पारंपारीक गोड पदार्थ, सजयल्ल्या मातयेच्या आयद-नांत शिजोवन, उपकार म्हणून सूर्यदेवाक अर्पण करतात. आसामांत 'माघ बिहू वा भोगली बिहू' पारंपारीक उमेदीन मनयतात. गुजरात आनी अस्तंत भारतांतल्या हेर वाठारांनी 'उत्तरायण' हो पतंगांचो उत्सव म्हळ्यार, मळब वेगवेगळ्या रंगांनी भरता. ही परब वेगवेगळ्या राज्यांनी वेगवेगळ्या नावान मनयतात, तरी ही परब सैमाचे उदारपण, संस्कृतीक गिरेस्तकाय आनी उपकाराची भावना दाखयतात.

मजगती, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशवासियांक परबी भेटयल्या. हे उत्सव सुखाची, खोशयेची, एकठांय येवपाची भावना मुखार व्हरतले, अशें सोशल मीडिया पोस्टात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.

-----------